चॉकलैट

5726
P-KON
BIK (D)

डॉ. भिकाजी घाणेकार

5126

चॉकलेटी

डॉ. भिकाजी घाणेकार

बिम्ब
प्रकाशन

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) Mangaluru
5726
P. KON
BIK.

प्रकाशक / बिम्ब प्रकाशन, 'धर्म-लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,
आगशी - गोंय ४०३ २०४.
दूरध्वनी / (०८३२) २४३८३५५.
प्रकाशन क्र. / १०८. **अक्षर जुळणी** / बिम्ब प्रकाशन.
छापणावळ / इम्प्रेशन्स - बेळगांव.
मुखावेलें चित्र आनी भितरलीं रेखाटनां : नॅटा वेल्यान.
© **सुनंदा घाणेकार**
पयली आवृत्ती / २० जून २०१५.
चॉकलेटी - डॉ. भिकाजी घाणेकार
Chokleti (Children's Poems) *by* ***Dr. Bhikaji Ghanekar***
मोल : ₹ ६०/-

बिम्ब प्रकाशन

ISBN : 978-93-84951-96-2

म्हजो नातू
निहाल मनोज घाणेकार
हाका
ह्यो गोड गोड
चॉकलेटी
मायेमोगान
आनी
बरो फुडार चिंतून

मांडावळ

१. गणपतीबाप्पाक 'ई–मेल' / १
२. बाबूचें पयलें शिकप / २
३. कोण जातलो? / ३
४. भुरगेंपण / ४
५. फॅशन शो / ५
६. टिचर / ६
७. म्हाका भाव जाय / ८
८. कर तूं मस्ती / ९
९. आजो आनी नातू / १०
१०. बाबूचे इश्ट / १२
११. भोंवडी / १३
१२. आज्जेगेर / १४
१३. बाबू नाचता / १६
१४. दिवाळी / १७
१५. हुंदीर / १९
१६. विनोदी जाप / २०
१७. इंटरनेट / २१
१८. जेवतना / २२
१९. घसरगुंडी / २३
२०. पर्यावरण / २४
२१. कंप्युटर / २५
२२. रानांतलें लग्न / २७
२३. उत्रांची जुगलबंदी / २९
२४. करमळेच्या तळ्यांत / ३१
२५. दिको / ३२
२६. दिसता तें मागता / ३३
२७. कंप्यूटरार दिवाळी / ३४
२८. बाबूची मोटार / ३६
२९. गणित / ३७
३०. बाबुल्याची भयण / ३८
३१. जाण्टो जालां / ४०
३२. म्हजें गीत / ४१
३३. म्हयन्याची करामत / ४२
३४. म्हजो श्रीकृष्ण / ४३
३५. गडबड / ४४
३६. नाच रे बाबू / ४५
३७. बाबूची आवड / ४६
३८. उतरांची सर्कस / ४७
३९. बाबूचो प्रस्न / ४८
४०. ३१ डिसेंबर / ४९

चॉकलेटी तोखेतना

दोतोर भिकाजी घाणेकार हांच्यो 'चॉकलेटी', चॉकलेटी म्हणल्यार चाळीस चॉकलेटींचो एक डबोच.

म्हज्या भुरगेपणार आमकां चॉकलेटी दिसताल्यो त्यो खंयच्या तरी पसच्यावेल्या विद्रांत वो फोलिणांत. तातूंत हात घालून पसरकार चॉकलेटी काडटालो आनी पुडी बांदून दितालो. त्या वेळार चॉकलेटी दोन चारूच तरांच्यो आसताल्यो आनी त्यो एकाच विद्रांत वो फोलिणांत दवरताले.

आयज खंयच्याय मॉलांत वचात वो दुकानांत वचात, तरातरांच्या चॉकलेटींचो एक विभागूच दिसतलो. ह्यो इतल्या तरांच्यो, इतल्या रंगांच्यो आनीक तरातरांच्या आकारांच्यो चॉकलेटी पळोवन भुरग्यांचो जीव भुल्लूसून वचना जाल्यारूच अजाप म्हणपाचें.

चॉकलेटी ह्यो फक्त भुरग्यां पासतच आसतात अशें न्हय. चॉकलेटी सगळ्यांक आवडटात. निकतेंच जल्माक आयिल्लें, एक्कूय दांत नाशिल्ल्या भुरग्या पासून एक्कान एक दांत पडिल्ल्या जाण्टे मनशाक चॉकलेटींचें पिशें. चॉकलेटी अमकेच पिरायेच्या लोकां खातीर अशेंय कोणें अजून थारावंक ना. कित्याक चॉकलेटी आवडना असलो मनीसूच आमकां सांपडचोना.

अशें आसलें तरी दोतोर भिकाजी घाणेकार हांच्यो ह्यो चॉकलेटी आमकां आवडूंक ना अशें कोण तरी म्हणटा अशेंय आयकूंक आयलें. दोतोर घाणेकारानूच तशें सांगलें. दोतोरान तांचे कडेन लक्ष दिवंचें न्हय. कांय लोक चॉकलेटीं पासून आपूण जावन पयस रावतात, कित्याक तांचे भलायकेक चॉकलेटी बऱ्याक पडनांत. तांकां संवय आसता दोतोराकडल्यान पिल्लां आनी गुळयो घेवपाची. दोतोर जर असल्यांक गिनसां भासांच्यो गुळयो, पिल्लां दिवपाचें सोडून चॉकलेटी दिवंक लागलो जाल्यार हे लोक दोतोरांचे चॉकलेटींक बरे कशे म्हणटले?

म्हाकाय दोतोर घाणेकाराल्यो सगळ्योच चॉकलेटी आवडल्यो अश्यांतलो भाग न्हय. हांवें दोतोराच्या ह्या चॉकलेटीं डब्यांतल्यो म्हाका आवडिल्ल्यो जायत्यो चॉकलेटी वेंचून वेंचून हे आदीं दर म्हयन्याक बिम्बाच्या पुड्यांत बांदून

माणकुल्यांक धाडून दिल्ल्यो आसात. दरेक चॉकलेटीची रूच, सुवाद, रंग, वास वेगवेगळो आसता. म्हाका जी चॉकलेट आवडूंक ना ती आनीक कोणाकूय नक्कीच आवडटा. तेच पासत तरातरांच्या चॉकलेटीनी भरिल्ले मांड आमकां सगळे कडेन दिसतात. लोकांची थंय गर्दी आसता. पूण विकतें घेवप जाता तें आपल्याक आवडटा त्योच चॉकलेटी.

दोतोर भिकाजी घाणेकारांच्यो चॉकलेटी आवडपी खूऽब्ब जाण आसात. तांचेच निवडी वेल्यान दोतोर भिकाजी घाणेकारांक बिम्ब पुरस्कारूय हे आदीं फावो जाला. आयज बिम्ब प्रकाशन तांच्या चॉकलेटींचो हो डबो भरून वा पुडो करून तांच्या चॉकलेट मोग्यां सामकार दवरता. होय एक तांचे खातीर पुरस्कारूच अशें म्हाका दिसता.

ह्या डब्यांतल्यो ह्यो चाळीसूय चॉकलेटी विंगविंगड आकाराच्यो, रंगाच्यो, सुवादाच्यो, रुचीच्यो आनी गंधाच्यो. दरेक चॉकलेटीक आपलोसो एक आगळो वेगळो स्वाद आसा आनी हो स्वाद कित्याक लागून आयला हें तुमकां खबर आसा? हांव सांगतां...

दोतोर घाणेकारांचो, आयज जी कोंकणी आमकां दिसता तिचे बुन्यादीच्या वावरांत खूब व्हडलो वांटो आसा. कसलोच लाव लुकसाणीचो विचार करिनासतना दोतोर घाणेकारान आपले परीन कोंकणी साहित्यांत, खास करून बालसाहित्यांत भर घाल्या. तांच्या सारख्या लोकांची निश्ठा पळोवनूच आमीय कोंकणी साहित्यांत थोडीभोव भर घालूंक पावले. आमी कोंकणीच्या वावरांत तृप्त आसात. तेच तृप्ततायेन धेंकर दितना एक चॉकलेट जिबेर दवरची ह्या हावेसान हो चॉकलेटीचो डबो दोतोर घाणेकारांच्या ७३व्या जल्मदिसा बिम्ब प्रकाशन उगडटा आनी ते चॉकलेटींविशीं दोन उतरां बरोवंक दोतोर भिकाजी घाणेकारान म्हाका संद दिली देखून हांव तांचो भोव उपकारी आसां.

तांकां भलायकेन भरिल्लें उमेदी आयुश्य हे मुखारूय लाभूं आनी ह्याय मुखार चॉकलेटी, पिपिरमिटां, लॉलिपॉप बी दिवपाची उर्बा आनी उर्जा लाभूं अशी तांच्या ह्या जल्मदिसा नियंत्याकडेन म्हजी प्रार्थना.

- दिलीप बोरकार

गणपतीबाप्पाक 'ई-मेल'

हे गणपतीबाप्पा
मम्मी सांगता तें खरें?
तुवें इतल्या लोकांक
त्रासांत उडयले खंय मरे?
कित्याक केलें तुवें अशें?
कोणाचो राग तुका आयलो?
कितले लोक मेले
कित्याक तूं असो वागलो?
सगळे तुजेच भक्त
भद्रिनाथ देवळांत
सगळे एकठांय जाल्ले
तांकां अशें कित्याक केलें?
हांव जाणां, हांव जाणां...
आमचेंच कितें तरी चुकलां
ते बगर तूं अशें करचो ना
अशे त्रास दिवंचो ना

बाबूचें पयलें शिकप

बाबू उलोवंक शिकता
मांय शिकयता इंग्लीश
पाय शिकयता कोंकणी
बाबू म्हणटा
'ओपन' जाय, 'ओपन' जाय
एक, दोन, तीन
वन, टू, थ्री
'आयस' जाय, 'आयस' जाय
मांय हाडटा बर्फ
पाय दाखयता दोळे
'सन' जाय, 'सन' जाय
मांय दाखयता सूर्या
पाय म्हणटा चल या
मांय 'वेर इज कॅट?'
पाय 'हेका कोणें केलें कॅट?'

कोण जातलो?

बाबूची आजी पणजेची
बाबूची पणजी पुणेची
देखून बाबू उलयता
मिस्तुराद कोंकणी मराठी

गरम म्हणल्यार हून
बाबू जाला आतां जून
पांच वर्सांचेर पळोवंक
सोदता दिसभर 'कार्टून'

बाबूक आवडटा मिठाय
पणजी धाडटा पुणेची
तशेंच काजी आवडटा
धाडटा आजी पणजेची

बाबूचो पप्पा दोतोर
बाबूची मम्मी इंजिनेर
बाबू कोण जातलो काय?
फकणांनी म्हणटा, कुजनेर!

भुरगेंपण

म्हज्या नातवाच्या दोळ्यांत
म्हाका म्हजें भुरगेंपण दिसलें
आनी जाण्टेपण विसरून
तेंच पुराय सपन रंगलें

शाळा अदर्यार सोडून
मदींच इश्टां वांगडा घरा येवप
रस्त्यार क्रिकेट खेळटना
शेजान्नीच्या घराचो हारसो फुटप

पावस पडल्यार
जोराचें निमीत्त करून घरा
सुटयेंत दोंगरार वचून
काजू, काण्णां, चुन्नां, चारां

आवय बापायक फटोवन
रेडियोचेर क्रिकेट आयकप
सगळें सगळें करून
शिकपाचेर चड भर दिवप

फॅशन शो

रानांत फॅशन शो आसलो
हरण चुडिदार घालून आयलें
झेब्रान घाल्ली मोटवी पॅन्ट
सगळ्यांक सांगीत सुटलो
फुल पॅन्ट फूल तिकेट
हाफ पॅन्ट हाफ तिकेट
नो पॅन्ट नो तिकेट
माकडान घालो बॅलबॉटम
सोंश्यान घाली सल्वार कमीझ
हत्ती फात मारून
सवकास कसो चलतालो
वागान बिकिनी घाल्ली
शालू न्हेसून शींव
मोट्यान आड्डत बसलो
नागडो उगडो आयलो कोलो
सगळ्यांचो हांसो मोट्यान फुल्लो

टिचर

टिंचूची टिचर
रावता भोमा
ती शिकयता भुगोल
गोल-गोल-गोल

पिंटूची टिचर
रावता पिरवळ
ती शिकयता पीटी
पिटी, पिटी, पिटी

गणूची टिचर
रावता गांवण्यां
ती शिकयता गणीत
इत, इत, इत

इंदूची टिचर
रावता इब्रामपूर
ती शिकयता इतिहास
हास, हास, हास

शोभनाक टिचर ना
तें शाळेक वचना
वर्सां ताका दोन
सारकें जेविना, खायना



म्हाका भाव जाय

मम्मी मम्मी म्हाका
एक भाव जाय!
नाताशाक भाव आसा
तलाशाक भाव आसा
रविशाक भाव आसा

म्हाकाय एक भाव जाय!

तूं जाणा मम्मी
'पणजेच्या हॉस्पीटलांत
खूब म्हारग विकतात
पूण बांबोळे सामके
सवाय मेळटात खंय!'
थंय वचपाची पसून
गरज ना
ते खंय घराच कडेन
बाबूक धाडून दितात
तूं फक्त 'लॉग ऑन कर'
www.BAM-GMC.com

कर तूं मस्ती

हांगा चड, थंय देंव
काड माती, मार रेंव
राव सदांच खोशी
कर तूं मस्ती

खेळणीं मोडून उडय
पप्पा मम्मीक बडय बडय
ओगी बसूं नाका रे तूं
मात पसून आळशी

फिरूंक या घेवन सायकल
झगडुंया जावन अस्वल
वाढ जावंदी तुजी
दर दिसा दर राती

मम्मी तापली, पप्पा तापलो
मारलो तुका ताणीं
विचार तांकां आतां
केली श्रीकृष्णान
कितली मस्तीच मस्ती

आजो आनी नातू

बाबुल्याच्या माथ्यार
काबुलीवाली चेपें
बाबुल्याचें आजोळ
शिरवय केपें

बाबुल्याच्या हाताक
घडयाळ ‘फॉरेन’
बाबुलो रावता
आल्दोना ‘कारेन’

बाबुल्याच्या पांयांक
‘साटां’चे बूट
बाबुल्याक शिंवला
दुरंगी सूट

बाबुल्याचो देव
माशेलांत मल्लीनाथ
बाबुल्याक सदांच
मन मेकळी साथ

असोच आमचो बाबुलो
सदांच हांसता खेळटा
आज्याच्च्या उल्याक
रोखडोच धांवून येता

बाबूचे इश्ट

कुतू आनी बिलू
बाबूचे इश्ट जाल्यात
तिगांय जाणां बरीं
दिसभर खेळटात

कुतू बसता उजवे वटेन
बिलू बसता दावे वटेन
उजव्या हातान
एक थापट कुतुचेर
दाव्या हातान
एक थापट बिलुचेर

बिलू पायांनीं
बाबूक सांसपिता
बाबूचो एकूच हांव
खरो इश्ट
कुतू भुंकत सांगता

भोंवडी

सुटी पडटकच
बाबू गेलो भोंवडेर
पप्पा, मम्मी
आजो आनी आजी

बंगळुरू पावतकच
बाबू खोशी जालो
थंडगार हवेंत
स्वेटर चडयलो

वृंदावन गार्डन
सोबीत सुंदर
बाबूच्या वोंठार
आयलें उतर

चार दीस कशे
सरले कळ्ळेंच ना
बाबू म्हणटा
या परत वृंदावनां

आज्जेगेर

आज्जेगेर एक
ताबूल फळें आसा
तें घेवन आमी
ताबलांनी खेळटात

आज्जेलें घर
दर वर्सा शिंवतात
शिंवलें ना जाल्यार
पावसाचें उदक पोंवता

आज्जेगेर वतकच
सुटी बरी रंगता
खेळत, नाचत
आंबे, काजू खाता

आज्जेगेर सगळे येतात
मामेभाव, आतेभाव
बापोलभाव आनी इश्ट
सगळे वांगडा खेळटात

क्रिकेट, फुटबॉल
कॅरम, व्हॉलीबॉल
खेळटां खेळटां
रोखडीच सुटी सोंपता

बाबू नाचता

तबल्यान धरले ठोके
था धीन ऽ धा धीन
धीन धीन तक
तकऽ तकऽ धीन!

पेटयेन सूर काडले
पे पे पें पेरे पेंपें
हात हालयत
तालार गाजले!

गिटार घेवन हातांत
बोटां फिरयलीं ताणें
टूण! टूण! टूक! टूक!
सूर ताल एक जाले

त्याच सुरार, त्याच तालार
नाचता बाबू आमचो
हात करून वयर सकयल
कोणेंय ताका तोखेवंचो!

दिवाळी

श्रीकृष्ण आसलो
खूब खूब मस्तो
आडावन धरतालो
गोपींचो रस्तो

चोरून खावप
दूद आनी लोणी
मारल्यार लेगीत
मस्ती जायना उणी

सगळ्यो गोपी
व्हाळार न्हातालीं
तांचीं न्हेसणां
कान्हान लिपयलीं

गोपींक आयलो
खूब खूब राग
देवकी सरेन
गेल्यो मागूंक जाप

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) ★ Mangaluru

दिसरात मस्ती
वाडत गेली
एक दीस ताणें
हुशारकाय दाखयली

ह्याच श्रीकृष्णान
नरकासूराक मारलो
संवसारभर दिवाळी
उत्सव मनयलो

हुंदीर

पप्पा पप्पा पयलीं
हुंदीर शेतांनी भाटांनी
कोठये कुडींत बी
आसताले खंय रे?

आतां ते
इंटरनेटासरेन
कंप्युटरा सरेन
कशे पावले?

शेतां भाटां
रानां वनां
कापलीं म्हणून रे?

विनोदी जाप

‘धा’तले आठ काडले
उरले फकत दोन
‘णवां’तले सात काडले
उरले फकत दोन
‘आठां’तले स काडले
उरले फकत दोन
‘सातां’तले पांच काडले
उरले फकत दोन
‘स’तले चार काडले
उरले फकत दोन
‘पांचां’तले तीन काडले
उरले फकत दोन
‘तिनां’तलो एक काडलो
उरले फकत दोन
जाप येता सदांच दोन
कित्याक सांग?
बाबून सांगलें
आमकां आसा
फक्त दोन दोळे
दोन कान

इंटरनेट

बाबू कडेन इंटरनेट आसा
ताचेर ताका खूब म्हायती मेळटा

शाळेंत भुरगीं कितलीं
बरो इश्ट खंयचो
इश्टाक कितें जाय
खंयचो खेळ खेळचो

बाबूक क्रिकेट आवडटा
बॅट खंयचें बरें
बॉल खंयचो बरो
कंप्युटराचेर सोदल्यार मेळटा

बाबूक सगळें पाठ
बाबूचो इंटेरनेट अजापाचो
बाबूचे तकलेंत आसा
इंटेरनेट बाबूचो

जेवतना

जेव जेव रे राया
व्हड व्हड जावपाक
सगळी उंडी घे रे राया
घरचें नांव वयर काडपाक

पयली उंडी मम्माची
दुसरी उंडी पप्पाची
घे घे रे राया
शिकून व्हड जावपाक

तिसरी उंडी आज्याची
चौथी उंडी आज्जेची
जेव जेव रे राया
व्हड मनीस जावपाक

पांचवी उंडी मामाची
सवी उंडी मामीची
मामा मामी खूब खूब
खेळणीं हाडटलीं

घसरगुंडी

बाबूक आवडटा घसरगुंडी
सोपणां वयर चड
घस्स करून ताडीमिडीं
बाबू खेळटा तालगडी

चडटनाय मजाच मजा
देंवतना चड मजा
केळ्यासाली वेल्यान
निसरून गुडगुडी

बाबू म्हऱ्यांत रावता मम्मी
बाबूचेर नदर आसल्यार बरी
बाबू मम्मीक पयस काडटा
मम्मी तूं भियेता अशी

बाबू एकदीस पडलो
मात्सो भियेलो तो
नाका घसरगुंडी नाका ताडी
आतां विसरलो
म्हणटा जाय जाय

पर्यावरण

बंटीन पप्पाक विचारलें
'पर्यावरण म्हळ्यार कितें?'
पप्पान ताका सांगलें
'आमच्या भोंवतणी आसा तें.'

शेतां, भाटां, झाडां, पेडां
दोंगर, कुळागरां, रानांवनां
बंटीन परत विचारलें
'आमी खंय रावचेलें?'

पप्पा मात्सो गडबडलो
ताणें सांगलें जंय जंय
शेतां, भाटां, झाडां, पेडां
दोंगर, कुळागरां, रानांवनां
ना-थंय रावचेलें

तशें जल्यार फक्त उरलें
उदक, न्हंयो आनी सागर
पप्पान बंटीक म्हळें
'तुका जाय थंय तूं राव'

कंप्युटर

‘जनेलां’ उगडून ताणें
सुरू केलो कंप्युटर
‘हुंदराक’ हातांत घेवन
फिरयलो भायर भितर

‘फळ’ उतर काडलें
तयार जाली माटोळी
रंग नांव घेतलें तेन्नाच
रंगली थंय रांगोळी

घर पळेतनाच आयलीं
सगलीं नातीं घरचीं
आवाजान सुरू केल्यो
देवाच्यो मंगल आरती

भुरग्यां हातांत फोगेटी
गर्नाल नी चंद्रजोती
‘स्काय’ उतरान जाल्यात
मंगलमय दिवल्यां वाती

खोशी जाल्यांत भुरगींबाळां
पळोवन 'कंप्युटर' नवलां
फोगेटींच्या आवाजान
तन मन धुंद जालां

धन्य धन्य आनंद
गाजलो सगलो गांव
गणपतीच्या येवकारान
सूख येवं दुख्ख पयस जावं

रानांतलें लग्न

रानांत आसलें नाटक
नाटकांत माकड न्हवरो
माकडीन जाल्ली व्हंकल
सोबीत सुवाळो आसलो

हरीण जाल्ली करवली
कोलो जाल्लो भट
एक मेका तोखेताले
नाटकांतले सगळे नट

व्हड मांडिल्लो बुफे
सगळीं सगळीं खाणां
सगळेंच कशें रुच्चीक
कितें खावचें कोण जाणा

व्हंकलेच्या मामान हाडली
व्हंकलेक भर माटवांत
अक्षदांचो शींवर जालो
सगळ्या वाठारांत

Language & Cultural Foundation

परत सुवाळो गाजलो
बॅन्ड वाजूंक लागलें
माकडाक दिसली लज
तो पयस पयस धांवलो

उत्रांची जुगलबंदी

‘अ’न हाडलें अनस
‘ब’न हाडले बटाट
‘क’न हाडलें कणस
अनस, बटाट, कणस
म्हणूंक लागलीं
रस, रस, रस...

‘ब’न हाडलें बॅट
ताणेंच हाडलो बॉल
‘व’न हाडली विकेट
बॅट, बॉल, विकेट
खेळूंक गेलीं क्रिकेट
क्रिकेट, क्रिकेट...

‘त’न हाडलें तबलें
‘प’न हाडली पेटी
‘स’न हाडली सतार
तबलें, पेटी, सतार
तिगांय नाचूंक लागलीं
सारे, गम, पध नीसा

‘द’न हाडलो दुदी
‘क’न हाडलें कणंग
‘न’न हाडलो नाल्ल
दुदी, कणंग, नाल्ल
हांसत खेळत नाच!
तांचें जालें खतखतें



करमळेच्या तळयांत

करमळेच्या तळ्यांत
आसले साळकांचे तुरे
तांकां पळोवंक येतालें
सुकण्यांचें भिरें

तांबडीं, निळीं, धवीं, काळीं
साळकां सोबीत दिसतालीं
उदका थरार सुंदर
हळुहळू उफेतालीं

एकदीस आयली थंय
कोंकण रेल्वे
सुकणीं उडून गेलीं
साळकां जालीं एकलीं एकसुरीं

करमळेचें तळें सुकलें
सुकणीं ना साळकां ना
आतां फकत थंय
मनशां मनशां भिरें

दिको

उत्तरेक पेडणे
दक्षिणेक काणकोण
खंयचें राज्य सांग?
गोंय, आमचें गोंय

उत्तरेक हिमालय
दक्षिणेक कन्याकुमारी
खंयचो देश सांग?
भारत आमचो देश

उत्तर, दक्षिण
पुर्व, पश्चीम
बाबू शिकता दिको
बाबूचो विशय आवडिचो

दिको शिकतना
बाबू भोंवडायता हात
वयर सकयल
उजवो दावो दिसरात

दिसता तें मागता

बाबूक दिसलो जल्लो
ताच्या फाटल्यान धांवलो
धांवतां, धांवतां
जल्लो मेजा पोंदा लिपलो

बाबूची गेली नदर
आसलो थंय हुंदीर
हुंदराक बाबू भियेलो
मम्मान दिलो धीर

वण्टीर बशिल्ली पाल
बाबू म्हणटा तीच जाय
मम्मान विचारलें
'पाल जाय काय पीपी जाय?'

जल्ले, उंदीर, पाली
असलेंच बाबूक दिसता
दिसता तें तें तो
आपल्याक सोदता

कंप्यूटरार दिवाळी

हुंदीर हातांत घेतलो
हांगा थंय फिरयलो
‘न’ उतर दामलें
चार माड नरकासूर
रोखडोच तयार जालो

‘श्री’ उतरान तयार
मुखार ‘श्री कृष्ण’
सात भयणी मारल्यो
होच जाता प्रस्न
साकार करूंक सपन

हातांत घेवन चक्र
‘सु’ उतरान सुदर्शन
बोटार उबें आसलें
तेंच ताचें शस्त्र

हा हा हा म्हणत
नरकासूर हांसता
तलवार फिरयत
वाडोभर भोंवता
लोकांक पिडटा

‘म’ उतरान मरण
नरकासूराक मरण
सगळो गांव नाचत
धोलताशे वाजयतात

...nguage & Cultural Foundation Mangaluru

बाबूची मोटार

रस्त्यावेल्यो गाडयो
मोटारी स्कुटरी
पळेत सावन
बाबूक जाय मोटारी

उजव्या हातांत एक
दाव्या हातांत एक
बाबू चलयता
दोन दोन मोटारी

पयलीं सवकास
मागीर फास्ट करीत
तें पळोवन
घरचीं ताका तोखेतात

एके राती बाबू उठलो
सोदीत आपली मोटार
पप्पा, मम्मा, आजो, आजी
अजाप जालीं आनी
सगळीं धांवलीं रस्त्यार

गणित

आज्याक म्हज्या
गणित कांयच कळना
धा आनी दोन कितले?
आजो म्हणटा खबर ना

पंदरांतले दोन काडले
कितले उरले सांग?
आजो दोळे वयर करून
खाजयता आपलें आंग

बारा दुणे कितले?
खरे जाता चोवीस
आज्यान उत्तर दिलें
बारा दुणे पंचेचाळीस

आज्याक विचारलें हांवें
तूं गणित कसो विसरलो?
आज्यान हांसून म्हळें
पिरायेन जाण्टो जालों

बाबुल्याची भयण

कुकुल्याशा बायक म्हज्या
इल्ले इल्ले दोळे
दोळ्यांत दोळे घालून
सुखान ताका पळे

कुकुल्याशा बायक म्हज्या
इल्लें इल्लें नाक
संवसाराच्या प्रस्नाक
मेळटा थंय जाप

कुकुल्याशा बायक म्हज्या
इल्ले इल्ले कान
आयक, तातूंत रे
जिविताचो मंत्र म्हान

कुकुल्याशा बायक म्हज्या
इल्ले इल्ले हात
हातांत लिपून आसा
संवसाराची रात

कुकुल्याशा बायक म्हज्या
इल्ले इल्ले पांय
संवसारभर चलपाची
आसा तातूंत तांक

जाण्टो जालां

बाबूक मम्मान
मोटार हाडली
दुसरेच दिसा
बाबून ती मोडली

बाबूक पप्पान
पेंपारें हाडलें
दुसरेच दिसा
बाबून तें मोडलें

बाबूक आज्यान
आलार्म घड्याळ हाडली
दुसरेच दिसा
बाबून ती मोडली

बाबूक सगळो खेळ
हाडलो तो बाबून मोडलो
आतां बाबू जाण्टो जाला
क्रिकेट खेळूंक लागला

म्हजें गीत

सा रे ग म प ध नी सा
दो रे मी फा सो ला सी दो
सात सुरांचें गीत म्हजें
तुकांच रे बाबू ओपतां

तूंच रे म्हजो फुडाराचो कुंवर
तुवेंच करचो उमेदीचो शिंवर
इल्ले इल्ले दोळे ल्हान ल्हान कान
तुवेंच गांवचें म्हजें गान

ह्या ल्हानशा संवसारांत
तुज्या म्हज्या सुखदुखांत
व्हड व्हड जावंचो तुवें
राखून सगळे मान सन्मान

आनीक किदें सांगूं तुका
इतलेंच पुरो रे म्हाका
आयच्या दिसा ह्या खिणा
देवालागीं हेंच मागतां

म्हयन्याची करामत

जानेवारी आनी फेब्रुवारी
शिंयान दोगूय कुडकुडटाले
तांकां मेळ्ळे 'मार्च एप्रिल'
दोगूय वतान तापले

मे गेलो सुटयेर
आपल्या मामागेर
जून जुलै ऑगस्ट
तिगूय पावसांत मावशेगेर

सप्टेंबर आनी ऑक्टोबर
पावस, वत घेवन उजो
नोव्हेंबर, डिसेंबर
जात्रा, फेस्तां, काले
दिवाळी, नाताल
एकेक सण मनयत रावले

म्हजो श्रीकृष्ण

सगळ्या गांवांनी
म्हज्या बाबू सारको
हुशार भुरगो ना
मस्तीय खूब खूब करता
तेन्ना याद जाता श्रीकृष्ण

सगळ्या वाड्यार
म्हजो बाबू एकलोच
मुरली वाजयता
मुरलीची तान आयकून
याद जाता श्रीकृष्ण

सगळीं भुरगीं
म्हज्या बाबू वांगडा
दिसभर खेळटात
गोपी वांगडा खेळटालीं
तशीं म्हजो श्रीकृष्ण

गडबड

सकाळ सांज
बाबूची गडबड
मनावरी जालें ना
जाल्यार रड

भूक लागल्यार रड
तान लागल्यार रड
हांसता मात
खातना लाडू गोड

पप्पान दिली पिपी
मम्मान दिली पापी
तींच तर बाबूचीं
दोगांय आवडीचीं

मळबांत रातचो
चंद्रिम दिसलो
बाबू आमचो
हांस हांस हांसलो

नाच रे बाबू

नाच रे बाबू
तुळशीच्या आंगणांत
नाच रे बाबू नाच...

आंगण कशें फुलतलें
मन तुजें रे भुलतलें
हातांत दिवन हात
घुंवत घुंवत नाच

नाच आतां रंगतलो
वाऱ्या वरी धांवतलो
उमेदीची करीत
घरभर रास

सुकणीं गायतलीं
बाबू वांगडा नाचतलीं
यो गे यो मम्मी
तूंय आतां नाच

बाबूची आवड

बाबूक आवडटा ट्रक कोयराचो
धांवून धांवून येता पळोवंक तो

डबो वयर वता
कोयर ट्रकांत रकयता
परत सकयल येता
दुसरो डबो घालता

सुको कोयर, ओलो कोयर
वेगवेगळ्या डब्यांत आसता
बाबू बारीकसाणीन पळेता
आपलो खेळ खाटीर करता

अजापाचो हो डबो
बाबूचे आवडीचो
घडये फुडाराक
बिजली दीत तो

उतरांची सर्कस

‘त’ तोपयो घालीत
काडीत सुटिल्लो
‘उ’ उडक्यो मारीत
हांगा थंय धांवतालो

‘श’चो शींव गुरगुरतालो
पिंजऱ्यांतलो भायर सरलो
‘र’चो रींगमास्टर
ताका धरून मारतालो

‘च’ चिक्र पिरी
एकार एक दाळटालो
‘क’चें कुलेर उडोवन
लोकांक अजाप करतालो

‘च’चो जोकरवालो
हांसत खेळत नाचतालो
भुरगीं बाळां खोशी जावन
म्हणऽ सर्कस जाय सर्कस जाय

बाबूचो प्रस्न

पप्पान म्हळें,

‘बिये पासून झाड जाता
कवाथ्याचो माड जाता
कोंबी जातली तातयाची
आंबली जातली चंवराची’

बाबून विचारलें,

‘हें पप्पा कळ्ळें म्हाका
हांव जातलों तुज्या येदो
तेन्ना ‘आमचें गोंय’
जातलें व्हय भारता येदें?’

5926
BIK-P-1501

३१ डिसेंबर

सर्कशींतल्या माटवांत
३१ डिसेंबर बरो फुलयलो
हांसत, नाचत, गायत
माटव बरो गाजयलो

घोड्याचेर बसलो माकड
माकडाचेर वयर सोंसो
'डिस्को' डान्स करतना
माटवांत फुल्लो हांसो

शींव आनी वाग दोगूय
वांगडा नाच करी
दोगांयच्या शेपड्यांक
एक कुत्रो घट्ट धरी

तोपयो घालीत काडीत
धांवतालो एक मनीस
जोकराचे चाळे पळोवन
लोक हांशान कासावीस

5726
BIK-P-KON
Konkani Language & Cultural Foundation (R) Mangaluru

विसर केन्ना पडची ना
त्या वर्सा निमण्या दिसाची
वर्साक चारदां कित्याक
येना काय तो दीस?



दोतोर भिकाजी घाणेकारांच्यो ह्यो सुरबूस चॉकलेटी. वेगवेगळ्या आकारांच्यो, वेगवेगळ्या रंगांच्यो, वेगवेगळे रुचींच्यो. चॉकलेटी ह्यो अमुकूच पिरायेच वयल्या भुरग्यांकूच आवडटात अशें नासता. चॉकलेटी जश्यो भुरग्यांकूय आवडटात तश्यो जाण्ट्यांकूय आवडटात. चॉकलेटी तरातरांच्यो आसतात. कांय गोड गोड गोडूच आसतात. कांय मिरमिरीत आसतात, कांय आंबट गोड आसतात, कांय जिबेर तिखसाण आनी कडवटसाणूय हाडपी आसतात. तरी त्यो जाण्ट्या-नेण्ट्यांक सगळ्यांक आवडटात. चॉकलेटी भितर जशे वेगवेगळे 'फ्लेवर' आसतात तशीं तातूंत व्हिटामिनांय भरपूर आसतात.

दोतोर भिकाजी घाणेकारांच्या ह्या चॉकलेटींतूय वेगवेगळ्या फ्लेवरां वांगडाच व्हिटामिनांय सांपडटलीं.

- दिलीप बोरकार

बिम्ब
प्रकाशन

ISBN 9789384951962

मोल: ₹60